3rd September 2026 7.25am

Ganesh -विनीयाेग विधेयक - 80

सरकारी खात्यांनी 10 वर्सा पुराय जाल्या कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक नेमीत करपाचाे आदेश ऑक्टाेबर मेरेन जारी जातलाे. वर्साक तीन गॅस सीलींडर फुकट दिवपी येवजण आता सुरू जातली. पुरवणी मागण्यां खातीर तजवीज केल्या निधीत हे येवजणेचाे आस्पाव आसा. तशेच गाेंय विद्यापीठाच्या कॅम्पसात येत्या वसा© फाम©सी आनी वास्तु शिल्पकला म्हाविद्यालय इमारत जातली. हाचे खातीर तजवीज केल्या, अशें मुखेलमंत्री डाॅ. प्रमाेद सावंत हांणी सांगलें.

पुरवणी मागण्यांचे विनीयाेग विधेयक संमत जावन पावसाळी अधीवेशनाचाे समाराेप जालाे. चर्चेक जाप दितना मुखेलमंत्र्यांनी ही म्हायती दिली.

म्हादय मुखेलमंत्री - 130

म्हादय प्रस्नाचेर सरकार कसल्याच प्रकारची तडजोड करचे ना. म्हादय प्रस्नाच्या स्थितीविशी उदका पुरवण खात्याचे अधिकारी आनी प्रवाह हांचे मदी जोड बसका जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

म्हादयचे उदक घुंडावपा खातीर कळसा-भांडुरा हांगची स्थिती आनी एकंदर परिस्थितीचेर सरकार नदर दवरून आसा. म्हादयचे उदक घुंडावप कर्नाटकाक शक्य जावचे न्हय म्हण तंत्रीक, प्रशासकी आनी कायदेशीर मार्गान गोंय सरकाराचो लडो सुरू आसा, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. म्हादय उदक घुंडावपा विशीच्या लक्षवेधी सूचोवणेचेर मुख्यमंत्री उलयताले. प्रकल्पा खातीर आवश्यक ते परवाने दिवचे न्हय, अशें केंद्रीय राना आनी पर्यावरण मंत्रालयाक बरयला. हे भायर सर्वोच्च न्यायालयात लेगीत कर्नाटका आड अवमान याचिका दाखल केल्या अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

म्हादय प्रस्नाचेर सरकार गंभीर ना. न्यायालयाच्या देखरेखी खाला म्हादयच्या उदकाची पळोवणी जावपाक जाय, अशी मागणी युरी आलेमाव हांणी केली. म्हादय प्रस्नाचेर सरकार तशेच अधिकारी गंभीर ना.

Electricity Bill in Goa - 50

वाढीव लायटीची बीला गोयकारांच्या बोल्साक खार घालपी थारला, सरकार हे वीशी गंभीर ना असो आरोप करीत विरधकांनी काल सभापतीच्या आसनमुखार वचुन बोवाळ घालो. वाढीव लायटीची बीला सरकार कशी पद्धतीन नियंत्रणात हाडटलो असो प्रस्न आमदार विजय सरदेसाय हांणी केलो

विरोधकांनी वाढीव लायटिच्या बीलांचो विशय सभाघरात तापयले उपरांत मुखेलमंत्र्यानी जाप दितना सांगलें

विधेयकां संमत - 45

जमीन हडप दुरूस्ती विधेयका सयत सभाघरात हेर विधेयका संमत जाली.

गोंय घरनिर्माण दुरूस्ती विधेयक, गोंय सहकारी सोसायटी दुरूस्ती विधेयक, गोय भुंय महसुल दुरूस्ती विधेयक, लेजीस्लेटिव डिप्लोमा दुरूस्ती विधेयक, गोंय पर्यटन वेवसाय दुरूस्ती विधेयकाक सभाघरान मान्यताय दिली. संबंधीत खात्याच्या मंत्र्यांनी ही विधेयकां मांडून संमत केली.

Deviya Rane on Employment (35)

सत्तरींत खाजगी  कंपनीन थळाव्या तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळना असो हुस्को पर्येच्यो आमदार देवीया राणे हांणी काल  शुन्य वराक उक्तायलो.  (Byte) राज्यातलो रोजगारांचो प्रस्न सुटावो करपाक सरकार महत्व दीता अशें म्हणीत आमदार राणे हांच्या प्रस्नाक जाप दिताना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें

Sushant –90

कें‌द्रीय वेचणूक आयोगाचे मुखेल वेचणूक आयुक्त ग्यानेश कुमार हे दोन दिसांचे गोय भेटेर असून काल ताणी मडगावा गोयातल्या साबार बीएलओंक मार्गदर्शन केलें. बीएलओ हे वेचणूक प्रक्रियेतले मुखेल घटक आसून वेचणूक बरे भाषेन आणि योग्य रीतीन जावपाक तांची मुखेल भूमिका आसता अशें ताणी उपरांत पत्रकारांलागी उलयताना सांगलें. मडगावा रवींद्र भवनात ही बसका जाली. ह्या वेळार दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस आणि हेर महत्वाचे अधिकारी हाजीर आसले.

ह्या वेळार वेचणूक बरे भाषेन जावची हे खातिर कितें उपाय घेवपाचे आसतात हाचेर ताणी मार्गदर्शन केलें.

Sports – 30

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज संयुक्त अरब अमिरातीतल्या दुबय आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर टी -20 आशिया कप 2026 सर्तीत भारत अ गटांतल्या आपल्या दुसऱ्या मॅचींत  हांग्कांगा आड खेळटलो. भारतीय वेळा प्रमाण हि मॅच रातच्या 8:00 वरांचेर सुरू जातली.

Weather – 30

राज्यांत ८ सप्टेंबर मेरेन  हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय वेधशाळेन उक्यताल्या. आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31-32 degrees celcius, जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 25-26 degrees celcius आसपाची शक्यताय आसा.